# कायदो सेवा प्राधिकरणान प्रजासत्ताक दीस मनयलो

ता. 28 जानेवारी 2021

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणान 26 जानेवारी 2021 दिसा मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठात प्रजासत्ताक दीस मनयलो. मुंबय उच्च न्यायालयाच्या गोंय खंडपीठाचे न्यायाधीश महेश एस. सोनक हांचे हस्तुकीं राष्ट्रीय तिरंगो बावटो ह्वबयलो. गोंय मुंबय उच्च न्यायालयाचे न्यायाधीश श्री दामा शेषाद्री नायडू, न्यायमूर्ती श्रीमती. भारती एच डांगरे आनी न्यायमूर्ती श्रीमती मुकुलिका एस. जावळकर आनी हेर अधिकारी प्रजासत्ताक दीस सुवाळ्याक हाजिर आशिल्ले.

राष्ट्रीय तिरंगो बावटो ह्वबयले उपरांत आदल्या दिसा म्हळ्यार 25 जानेवारी 2021 दिसा जाल्ल्या राष्ट्रीय मतदार दिसाच्या फाटभुंयेर एड.रायन मेनेझीस हांचे "आमच्या मतदारांक सक्षम करप" ह्या विशयाचेर व्याख्यान जाले.

तशेंच उत्तर आनी दक्षीण जिल्हा कायदो सेवा प्राधिकरणान 24 जानेवारी 2021 दिसा राष्ट्रीय चली भुरगे दिसानिमतान आयोजीत कवीता सर्तीच्या जैतवंतांक इनामां भेटयली. दक्षीण गोंय जिल्ह्यात पयले इनाम कु. श्रावणी पेडणेकर, श्री निरांकार विद्यालय, माशे काणकोण, दुसरे इनाम मास्टर वेदांत गडकरी. युनियन हायस्कूल मास्टर वेदांत गडकरी आनी तिसरे इनाम कु. सायली कासार, श्री निरांकार विद्यालय, माशे काणकोण हांका भेटयले.

उत्तर गोंय जिल्ह्यात पयले इनाम कु. पारोमा कुलकर्णी, पीपल्स हायस्कूल, पणजी, दुसरे इनाम सादिया शेख, नॅशनल हायस्कूल, वाळपय आनी तिसरे इनाम कु. वैश्री आचार्य हांका भेटयले.

गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणान प्रजासत्ताक दिनानिमतान गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळ, पणजी महानगरपालिका आनी पालिका प्रशासनाच्या जोड पालवान सांताक्रूझ फुटबॉल मैदान ते पणजी कन्वेंशन सेंटर, राम मंदिर, भाटले ते टीबी चेस्ट हॉस्पिटल आनी राम मंदिर भाटले ते ताळगांव नितळसाण मोहिम आयोजीत केली. अॅडव्होकेट जनरल श्री देवीदास पांगम हांणी बावटो दाखोवन नितळसाण मोहिमेक सुरवात केली. गोंय राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणाच्यो वांगडी सचिव सायोनारा तेलीस - लाड, गोंय सरकाराचे सचिव डॉ. तारिक थॉमस, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान खात्याचे संचाकल श्री. लेव्हिन्सन मार्टिन्स, गोंय कोयर वेवस्थापन महामंडळाचे, वेवस्थापकीय संचालक श्री संजीत रॉड्रिग्ज, कॉर्पोरेशन आनी हेर अधिकाऱ्यांनी नितळसाण मोहिमेत भाग घेतलो .

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/139

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa